**Panaji regional news 14 dec 2025,7.20pm**

द्रौपदी मुर्मू

आयज राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन दीस. उर्जा संवर्धनाच्या म्हत्वा विशीं जागृताय करपा खातीर आनी उर्जा कार्यक्षमतायच्या मळार राष्ट्रान केल्ल्या कामगिरीचेर भर दिवपा खातीर हो दीस दर वर्सा मनयतात.ह्या संदर्भार अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी नवी दिल्लींत राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन पुरस्कार (एनईसीए) 2025 आनी उर्जा संवर्धनाचेर राष्ट्रीय चित्रकला सर्त 2025 विजेत्यांक भोवमान केलो.उर्जा संवर्धन आतां फकत पर्याय न्हय तर सध्याच्या काळांतली गरज आसा अशें राष्ट्रपती हांणी मेळाव्याक संबोधीत करतना सांगलें. वाचयल्ल्या उर्जेचो दरेक एकक सैमा कडेन जापसालदारकेची भावना दाखयता आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर काळजी आनी संवेदनशीलताय दाखयता अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी भर दिलो.उर्जा संवर्धन आनी निवळ उर्जा संक्रमणाच्या मळार भारतान म्हत्वाचीं पावलां उबारल्यांत अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी सांगलें. देशान थारायिल्ल्या वेळा मुखार निवळ उर्जेचीं वचनबद्धताय पुराय केल्या, जी उर्जा कार्यक्षमताय वाडोवपाच्या आनी डिकार्बनीकरणाच्या दिशेन म्हत्वाचें कामगिरी थारता अशें राष्ट्रपती हांणी नदरेक हाडलेंउर्जा कार्यक्षमतायच्या मळार उत्कृश्ट कामगिरी करपी राज्य पुरस्कारा खातीर कर्नाटकाक गट 1 त पयलें इनाम मेळ्ळें.गट 2 त आंध्र प्रदेशाक पयलें इनाम मेळ्ळें, जाल्यार गट 3 त केरळाक विजेतो वेंचून काडलें.गट 4 खातीर आसामाक पयलें स्थान मेळ्ळें, आनी गट 5 त चंडीगढाक पयलें स्थान मेळ्ळें.

उजो चवकशी

बर्च बाय रोमिओ लेन दुर्घटना प्रकरणी अधिकारी तशेच हेर संबंधीतांची चवकशी दंडाधिकारी चवकशी समितीतर्फे सुरू आसा. दंडाधिकाऱ्यांच्या समितीन हडफडेचे सरपंच रोशन रेडकार तशेच जमनीचे मूळ धनी प्रदीप घाडी आमोणकार तशेच सुनील दिवकार हांची चवकशी केल्या. कागदपत्रां तशेच परवान्यांची पडताळणी आनी संबंधीतांची चवकशी सुरू आसा. संबंधीतांच्या चवकशेक लागून अहवालाक थोडो कळाव जातलो, अशी म्हायती दंडाधिकारी अंकीत यादव हांणी दिली. निलंबित जाल्ल्यो प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्यो तेन्नाच्यो वांगडी सचीव

शमिला मोंतेरो हांची लेगीत चवकशी जाल्या. हडफडे हांगच्या बर्च बाय रोमिओ लेनीक फाटल्या शनवारा राती उजो लागून 25 जाणाक मरण आयिल्ले. हे घडणुकेक 8 दिस पुराय जाल्या. घडणुकेचे दसरेच दिसा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दंडाधिकाऱ्यामार्फत चवकशीचे आदेश दिल्ले. हे प्रमाण दंडाधिकाऱ्यां कडल्यान चवकशी सुरू आसा.

## गोंय मुक्ती दीस

राज्यांत गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो ता. 19 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक मंत्रीमंडळातले वांगडी, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल, सरकारी सचीव, अधिकारी हजर रावतले.राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात शाळांची भुरगीं सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर करतली.भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिगंबर कामत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात वीजमंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या  मुक्ती दीस सुवाळ्यात म्हापशें हांगा  पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा येरादारीमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, काणकोणा कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. रमेश तवडकर, पेडणे हांगा नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, सांगे समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, केपे हांगा उदकास्त्रोतमंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, दिवचले आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट तिरंगो बावटो हुबयतले.

## सम्मेलनाचे

स्वरसम्राज्ञी गिरीजाताई केळेकर स्मृति संमेलनाचे फर्मागुडयेर गोपाळ गणपती देवळाच्या प्रकारात काल सांजे उक्तावण जाले. सांखळी रविंद्र भवनाचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर हांच्या हस्तुकी ह्या दोन दिसांच्या संगीत संमेलनाचे

उक्तावण जालें. अशा संगीत संमेलनानी तरनाट्या पिळगेची उणीं उपस्थिती हो चिंतेचो विशय आसा अशें तांणी सांगले. भारतीय शास्त्रीय संगीत परंपरा मुखार वतली जाल्यार तरनाट्यांनी शास्त्रीय संगीताकडेन येवंचे पडटलें अशे चिमुलकर हांणी सुचयलें. गोवा मराठी अकादमीचे अध्यक्ष प्राचार्य अनिल सामंत हांचे मुखेल उलोवप जाले. संगीत हे फकत मनरीजवणेचे साधन न्हय तर तें आत्मानूभुती घेवपाचे सशक्त साधन आसा अशें अनिल सामंत हांणी सांगले. संमेलनाच्या उक्तावण सत्रांत अध्यक्ष जयंत मिरिंगकर हांणी प्रास्तावीक केले. अनिल पिळगांवकर , वेणीमाधव बोरकर आनी मनोहर तिळवे हांचो ह्या वेळार सन्मान जालो. उक्तावण सत्रा उपरांत फामाद गायीका सावनी शेंडे हांची मैफील जाली. आयज सांजे गिरीजाताई केळेकर स्मृति संमेलनाचो समारोप जातलो.

**फिट इडिया सडेज**

फिट इंडिया संडेज ऑन सायकल हो भारत सरकाराचो  मुखेल उपक्रम फाल्या म्हणल्यारुच आयतरा गोंयांत  आयोजित केला अशी म्हायती sports authority of india चे उप संचालक मयांक  श्रीवास्तव हांणी पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या.फाल्या सकाळी पावणे सात वराचेंर मिरामार सर्कलाकडल्यान ही सर्त सुरु जातली. जाल्यार मिरामार सक्रल ते दोनापवला सक्रल हय वाठारात ह्या सायकलिंग उपक्रमाचे आयोजन केलातेलुगू फिल्म अभिनेतो श्री मंचू मनोज कुमार, अभिनेतो मोहम्मद अली, सूबेदार मनीष कौशिक, अर्जुन पुरस्कार विजेतो ब्रूनो कौतिन्हो, पद्मश्री आनी अर्जुन पुरस्कृत ब्राहमानंद सांखवालकर, आनी भारतीय बायलांच्या फुटबॉल पंगडाचो आदलो मुखेल प्रशिक्षक मेमोल रॉकी आनी हेर कलाकारांचो आस्पाव आशिल्ल्या देशभरांतले नामनेचे कलाकार आनी खेळगडे हाजीर रावपाक लागून ही चळवळ आनीकय जिवीत जाली. ह्या वेळार उलयतना अभिनेतो मोहम्मद अली हांणी सगळ्या थरांतले लोक फिटनेस खातीर एकठांय येतात तें पळोवन खोशी उक्तायली मंचू मनोज कुमार हांणी सहभागींक संबोधीत करतना शिस्त आनी सुसंगती वरवीं आपली स्वताची फिटनेस कशी सांबाळटा हाचे विशीं अंतर्दृष्टी सांगली सकाळीं योग सत्रां, उर्बेभरीत झुम्बा नित्यनेम, लायव्ह गोंयकार संगीत, आनी भौशीक सहभागान जिवंत वातावरण दिसून आयलें आनी फिटनेस आनंददायक, समावेशक आनी टिकावू आसूं येता अशी कल्पना बळकट

जाली. मिरामार सर्कलाकडल्यान ही सर्त सुरु जातली. जाल्यार मिरामार सक्रल ते दोनापवला सक्रल हय वाठारात ह्या सायकलिंग उपक्रमाचे आयोजन केला

SKF गोवा रिव्हर मॅरेथॉन

१५ व्या SKF गोवा रिव्हर मॅरेथॉन ला आज चिखली येथे सकाळी सुरवात झाली. या स्पर्धेत एकूण ६,००० धावपटूंनी भाग घेतला होता.महत्वाचे म्हणजे त्यात २८ टक्के महिला धावपटू होत्या . यंदाच्या SKF गोवा रिव्हर मॅरेथॉन ची थीम होती "Pace for Peace", या वर्षी या स्पर्धेत मोठ्या प्रमाणात परदेशी धावपटू सहभागी होत आहेत. यात रशियन (११), ऑस्ट्रेलियन (११), अमेरिकन (१०), इस्रायली (५), जर्मन (५), ब्रिटिश (५), आयरिश (४), फ्रेंच (२) आणि दोन झेक धावपटूंचा समावेश आहे.

झेक प्रजासत्ताकातून येणारी सहा वेळची राष्ट्रीय मॅरेथॉन विजेती पेट्रा पॅस्टोरोव्हा १५व्या SKF गोवा रिव्हर मॅरेथॉनची स्टार धावपटू असणार आहे.एसकेएफ रिव्हर मॅरेथॉन २०२५ मध्ये विविध शर्यत गटांमध्ये जोरदार स्पर्धा पाहायला मिळाली, ज्यात वेगवेगळ्या राज्यांतील धावपटूंनी प्रभावी कामगिरी केली.१० किमी महिला गटात, १० किमी पुरुष गटात, २१.१ किमी हाफ मॅरेथॉन महिला गटात ऋतुजा पाटील (गोवा) हिने १:३१:२५ वेळेसह पहिले स्थान पटकावले, तर श्रेया पाटील (कोल्हापूर, महाराष्ट्र) १:३४:०० वेळेसह दुसऱ्या स्थानावर राहिली. गाझी तन्ना (कॅलंगुट, गोवा) हिने १:३७:४२ वेळेसह तिसरे स्थान मिळवले.२१.१ किमी पुरुष गटात, हुमेन सेनापंत (उत्तर लखीमपूर, आसाम) याने १:११:०५ वेळेसह पहिले स्थान पटकावले, त्यानंतर ओंकार बाकर (दापोली, महाराष्ट्र) १:११:५० वेळेसह दुसऱ्या स्थानावर राहिला, तर हरिश्चंद्र वेलिप (कुर्चोरिम, गोवा) याने १:२१:४० वेळेसह तिसरे स्थान मिळवले.